- लोकसभेंत वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक 150 वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान काल चर्चा जाली.
- लोकसभेंत आयज वेंचणूक सुदारणेच्या मुद्द्याचेर चर्चा जातली. मजगतीं, वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक 150 वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान राज्यसभेन चर्चा सुरू जावपाची आसा.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज नवी दिल्लीत हस्तकला पुरस्कार भेटयतल्यो.
- संसदेन भलायकी सुरक्षा से राष्ट्रीय सुरक्षा सेस विधेयक, 2025 संमत केलां.
- भारत आनी दक्षिण आफ्रिका ह्या पंगडा मदीं आयच्यान टी-20 माळेक सुरवात जाता.

Vande mataram – 85

लोकसभेंत वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक 150 वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान चर्चा जाली. हें गीत बांकिम चंद्र चॅटर्जी हांणी 1875 वर्सा बरयल्लें. चर्चेक सुरुवात करतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळें, वंदे मातरमच्या मंत्रान पुराय देशाक शक्ती आणि प्रेरणा दिली. ह्या गीतान स्वातंत्र्य चळवळीक उर्जा दिली अशें तांणी सांगलें. आयज वंदे मातरमाचे स्मरण ही ह्या सभाघरांतल्या सगळ्या वांगड्यांक आनी देशांतल्या लोकां खातीर सौभाग्याची गजाल अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

वंदे मातरमान स्वातंत्र्य चळवळीक शक्ती आनी दिका दिली अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगले.

Parl – 60

लोकसभा आयज वेंचणूक सुदारणेच्या मुद्द्याचेर चर्चा करतली. मजगतीं, वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक 150 वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान राज्यसभेन चर्चा सुरू जावपाची आसा. राष्ट्रीय लोकशाही आघाडी (एनडीए) संसदीय पक्षाची आयज नवी दिल्लींत बसका जातली.संसद पुस्तकालय भवन - पीएलबीच्या जी.एम.सी. बालयोगी सभाघरांत ही बसका जातली. लोकसभा आनी राज्यसभेच्या सगल्या एनडीए वांगड्यांक ह्या बसकेक हाजीर रावपाचे निर्देश दिल्यात.

Prez – 60

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज नवी दिल्लीत हस्तकला पुरस्कार भेटयतल्यो. 2023 आनी 2024 वर्सां खातीर कुशळ कारागिरांक हो पुरस्कार भेटयतले. हे प्रतिश्ठीत राष्ट्रीय पुरस्कार असादारण कला उत्कृश्टतायेचो भोवमान करतात अशें वस्त्रोद्योग मंत्रालयान सांगलें. भारताच्या समृद्ध आणि वैविध्यपूर्ण हस्तकला वारशाचे जतन आणि संवर्धन करपाखातिरची सरकाराची वचनबद्धताय हातूंतल्यान दिसून येता. वस्त्रोद्योग मंत्री गिरीराज सिंह आणि वस्त्रोद्योग राज्यमंत्री पबित्रा मार्गेरिटा हेउय ह्या कार्यावळीक हाजीर रावतले.

Cess – 110

संसदेन भलायकी सुरक्षा से राष्ट्रीय सुरक्षा सेस विधेयक, 2025 संमत केलां. राज्यसभेन ते मंजूर केले आनी चर्चे उपरांत ते लोकसभेत परत धाडले. या विधेयकात पान मसाला आणि केंद्र सरकारान अधिसूचित केल्या हेर खंच्याय वस्तूंच्या उत्पादनाचेर उपकर आकारपाचो प्रस्ताव आसा.सेसांतल्यान मेळपी येणावळ भौशीक भलायकी आनी राश्ट्रीय सुरक्षा खातीरच्या खर्चाखातीर वापरतले.विधेयकाचेर जाल्ले भासाभाशेत जाप दितना अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलें, नागरिकांची भलायकी आनी देशाची लश्करी तयारी घटमूट करपा खातीर सेस एक यंत्रणा दिता. हो सेस फकत हानीकारक वस्तूंचेर लायतले अशें तांणी सांगलें.

चर्चेत भाग घेतना काँग्रेसीचे शक्तिसिंह गोहिल हांणी गुटखा, पान मसाला सारकिल्या हानीकारक वस्तूंचेर बंदी घालपाक जाय अशें सांगलें. शिवसेनाचे मिलिंद मुरली देवरा हाणी ह्या विधेयकाक तेंको दिलो.

Solar – 105
प्रधानमंत्री सूर्य घर मुफ्त बिजली येवजणे खाला वट्ट 24 लाख घरांनी छप्पराचेर सौर उर्जा प्रणाली बसयल्या अशी म्हायती केंद्रीय नवी आनी नवीकरणीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद येसो नायक हांणी राज्यसभेक दिली. 2026-27 वित्तीय वर्सा मेरेन निवासी क्षेत्रांतल्या 1 कोटी घरांनी छप्पराचेर सौर वीज प्रणाली बसोवपाच्या उद्‌दिष्टाच्या हे सुमारे 23.96 टक्के आसा. राज्यसभेत दिलल्या लेखी जापेत तांणी 2025-26 वित्तीय वर्सा मेरेन 35 लाख घरांक आस्पाव करपाचो हे येवजणेचो उद्‌दिष्ट आसा अशें सांगलां. ही येवजण बरी प्रगती करता आनी राष्ट्रीय पोर्टलाचेर वट्ट 53.54 लाख अर्ज आयल्यात आनी देशभरांतल्या सुमार 24 लाख घरांक कव्हर करत 19 लाखां परस चड छप्परांचेर सौर ऊर्जा प्रणाली स्थापन केल्यात अशें तांणी सांगलें.

Civil aviation – 80
हवाई प्रवासाची सुरक्षीतताय सरकाराचें पयलें प्राधान्य आसा आनी तातूंत तडजोड जावची ना अशें नागरी विमानन मंत्री के राममोहन नायडू हांणी काल राज्यसभेंत सांगलें. पुरवणी प्रश्नांक जाप दितना तांणी सभाघराक म्हायती दिली की कितलींशींच उड्डाणा रद्द जाल्ल्यान प्रवाशांक खूब अडचणींक तोंड दिवचें पडलें आनी सरकार ह्या संबंदी चवकशी करता. हे प्रकरणांत सरकार खर कारवाय करतलें अशें तांणी सांगलें.

दुसऱ्या पुरवणी प्रश्नांक जाप दितना मंत्र्यांनी सांगलें, कांय विमानां रद्द जाल्ल्यान क्षमताय उणी जाल्ल्यान उप्राशिल्ली परिस्थिती पळोवन सरकारान देशभरांतल्या विमान भाड्याचेर मर्यादा घाल्या.

Indigo – 60
मजगती, इंडिगो एअरलाइन्सन नागरी विमान वाहतूक महासंचालनालयान जारी केलल्या कारणा दाखय नोटीसिक जाप दिल्या. ही बाब अत्यंत गैरसोयीची आशिल्ल्याचे सांगून, इंडिगोन गिरायकांक जाल्ल्या गैरसोयी आणि त्रासाबद्दल दिलगिरी उक्तायल्या. मजगतीं, इंडिगोन काल सांगलें की 827 कोटी रुपया परस चड पयशे परत केल्यात, आनी उरिल्ली रक्कम 15 डिसेंबर मेरेन परत दितले. 4,500 परस चड बॅगां प्रवाशांक परतून दिल्यांत, आनी उरिल्लीं 36 वरां भितर परतून दितले.

Goa fire – 110
गोयात जाल्ल्या दुर्घटनेच्या दंडाधिकारी चवकशेंत थळाव्या अधिकाऱ्यांनी केल्ल्यो व्हड प्रक्रियात्मक त्रुटी उक्तादार आयल्यात, देशांतल्यान पळून गेल्ल्या मुखेल आरोपींक धरपा खातीर पुलिसांनी पावलां उबारल्यात. थळाव्या सरपंचान हे आस्थापना खातीर वेपार परवानो सयत जायते परवाने जारी केल्ल्याचें चवकशेंतल्यान दिसून आयलें. म्हत्वाचें म्हणल्यार मार्च 2024 सावन गोंय पंचायत राज कायद्याचें उल्लंघन करून बेकायदेशीर रितीन चलपी हो जागो सील करपाक थळाव्या संस्थेक अपेस आयलें. गोंय पुलिसांक कळ्ळें की गौरव आनी सौरभ लुथरा हे दोग मुखेल आरोपी घडणुकेच्या कांय वरां उपरांत 7 डिसेंबराक सकाळीं 5:30 वरांच्या फ्लायतींतल्यान  फुकेटाक पळून गेल्ले. लुक आउट सर्कुलर (एलओसी) जारी केला. तांकां अटक करपा खातीर पुलिस सीबीआयच्या इंटरपोल विभागा कडेन समन्वय साधून आसात. नवे सुरक्षा मानक तयार करपा खातीर समिती स्थापन  केल्या.

PM WHO – 95
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी १९ डिसेंबराक नवी दिल्लीत भारत मंडपमात जागतिक आरोग्य संघटनेच्या (WHO) पारंपारिक वखदां विशीच्या दुसऱ्या जागतिक शिखर परिषदेच्या समारोप कार्यावळींत उलोवप करतले.

FTA – 60

भारत आणि युरोपियन युनियन (EU)न मुक्त वेपार करारा (FTA) खातीरच्या वाटाघाटींतल्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो आनी उलोवणी मुखार व्हरपा खातीर प्रस्न सोडोवपाचे मार्गांचेर चर्चा केली. वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूश गोयल हांणी युरोपीय युनियनचे वेपार आनी अर्थीक सुरक्षा आयुक्त मोरोस सेफकोविच हांचे बरोबर जाल्ले बसके उपरांत सोशल मिडियाचेर अशें सांगलां. परस्पर फायदेशीर एफटीए खातीर भारत सहकार्याची वाट पळयता अशें गोयल हांणी सांगलें.

IMD –50

भारतीय हवामान खात्यान आज अंडमान आनी निकोबार जुंवे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात गडगड आनी जोगला मारून घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या. छत्तीसगढ, मध्य प्रदेश, ओडिशा, पंजाब, तेलंगणा आनी विदर्भात कुडकुडयाच्या शियाचो अदमास आयएमडीन केला. फुडले तीन चार दीस मेरेन हरियाणा, राजस्थान, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा आनी दिल्लीत अशीच परिस्थिती आसतली.

Cricket – 100

क्रिकेटांत भारत आनी दक्षिण आफ्रिका हांचे मदीं पांच मॅचींची टी-20 माळ आयज सुरू जाता. पयली मॅच ओडिशाच्या कटक शारांतल्या बाराबती  स्टेडियमांत सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली. मजगतीं, हार्दिक पांड्या आनी शुबमन गिल हे दोगूय दुखापत जाले उपरांत हे मालिकेंत परतून खेळपाक तयार आसात अशें भारतीय कर्णधार सूर्यकुमार यादवान सांगलें.2024 वर्साच्या टी-20 विश्वचषका उपरांत रोखडीच टीम इंडियान 2026 वर्साच्या टी-20 विश्वचषकाची तयारी सुरू केली अशें भारतीय कर्णधारान मॅची पयलीं पत्रकार परिशदेंत सांगलें. ह्या माळेतली दुसरी मॅच बिरेस्तारा चंडीगढांतल्या मुल्लांपुरात, तिसरी धर्मशाळांत, चवथी लखनौ शारांत आनी फायनल अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत जातली. भारतान 2-1 अशे वन डे जैत मेळोवन टी-20 मालिकेंत प्रवेश केला.